**मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं मांडवी- ह्या शिक्षणीक फ्लॅगशिप कार्यक्रमाचो शुभारंभ**

***तरणाट्यांनी आपले ज्ञान आनी शिक्षणात सुदारणा करपाचो उलो***

ता. 26 सप्टेंबर 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज उच्च शिक्षण संचालनालयान सुरू केल्ल्या "मांडवी-MANDAVI" (मेंटोरिंग अँड नर्चरिंग डिजिटल अँड व्हर्च्युअल इनिशिएटिव्हज) ह्या फ्लॅगशिप कार्यक्रमाचो शुभारंभ केलो. ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी म्हणले, आयज आमी शिक्षणीक मळार नवीन मांडवी सेतू बांदतात. ज्या विद्यार्थ्यांक थेट अभ्यासक्रम पूर्ण करप शक्य जायना अशा विद्यार्थ्यांक "MANDAVI" चॅनल उपक्रमावरवीं ऑनलाइन पद्धतीन शिक्षण घेवपाची आनी अभ्यासक्रम पूर्ण करपाची संधी उपलब्ध करून दितले.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान म्हणले, शिकपाची इत्सा आशिल्ल्या प्रत्येक विद्यार्थ्यांखातीर सरकार उच्च दर्जाचे शिक्षण उपलब्ध करून दितले. गोंय राज्याक प्रत्येक मळार स्वयंपूर्ण करपाचे आपले उद्दिष्ट आसा, जाव मागीर ते कृशी, उद्देग वा शिक्षण क्षेत्र आसू. "MANDAVI" ह्या नाविन्य अशा उपक्रमाचो गोंयांक नक्कीच फायदो जातलो आनी तरणाट्यांनी ह्या उपक्रमाचो योग्य उपेग करून आपले ज्ञान आनी शिक्षणात सुदारणा करपाचो तांणी उलो मारलो.

गोंयांत नवीन शिक्षणीक धोरणाची अंमलबजावणी करपाखातीर IAIMS, DISHTAVO आनी MOOC सारखे उपयुक्त डिजिटल उपक्रम सुरू केल्लेखातीर मुख्यमंत्र्यान उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या प्रयत्नांचीय तोखणाय केली.

MANDAVI हो उच्च शिक्षण संचालनालयाचो उपक्रम MOOC विकसित करपाचो उपक्रम आसा , जे वरवीं जगभरातल्या हजारांनी विद्यार्थ्यांक उच्च दर्जाचे अभ्यासक्रमं उपलब्ध करून दितात. MOOC ही एक शिक्षणाची पद्धत आसून विद्यार्थी डिजिटल माध्यमावरवीं उच्च शिक्षण अभ्यासक्रम पुर्ण करपाक शकता.

उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या सध्या विकसित जावपी MOOC अभ्यासक्रम विद्यापीठ अनुदान आयोगाच्या अभ्यासक्रमाचेर

आदारीत आसा आनी  स्टडी वेब्स ऑफ ऍक्टिव्ह लर्निंग फॉर यंग ऍस्पायरिंग माइंड्स (SWAYAM) प्लॅटफॉर्मार क्रेडिट ट्रान्सफर पद्दतीन दिवपाचो प्रस्ताव आसा. विद्यार्थी ऑनलाइन शिकपाक शकतले अशें साबार अभ्यासक्रम उपलब्ध करपा खातीर  भारत सरकारान सुरू केल्लो हो कार्यक्रम आसा. उच्च शिक्षण संस्थां आनी उद्देग आनी संशोधन संस्थांतल्या तज्ञांच्या सहकार्यान  उच्च दर्जाचे शिक्षणीक उपक्रम तयार करप हे या कार्यक्रमाचे खाशेलपण आसा.

ह्या वेळार उच्च शिक्षण संचालक आनी कन्सोर्टियम फॉर एज्युकेशन कम्युनिकेशन हांचेनदी समजीकाय करार जालो आना ह्या कराराचो भाग म्हूण उच्च शिक्षण संचालनालयान संगीत आनी सीईसी- CEC खातीर एनालिटीकल  रसायनशास्त्र अशें दोन ऑनलाईन अभ्यासक्रम सुपूर्द केले.

ह्या वेळार सीईसीचे संचालक प्रो. जगतभूषण नड्डा, मुख्य सचीव श्री. पुनीत कुमार गोयल, सचिव (शिक्षण) श्री. रवी धवन, उच्च शिक्षण संचालक श्री. प्रसाद लोलयेकर, MOOC नोडल अधिकारी डॉ. कविता अस्नानी आनी मानेस्त हजर आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/580

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji